गोंयांत अडकून उरिल्ल्या 6117 विदेशी पर्यटकांक सरकारान धाडले स्वदेशांत

पणजी, 3 मे 2020

कोविड-19 महामारीच्या फाटभुंयेर देशांतल्या लॉकडावनाक लागून राज्यांत अडकून उरिल्ल्या विदेशी पर्यटकांक सुरक्षीतपणान स्वदेशांत धाडपाचें संयोजन आनी सुविधा गोंय सरकारान केली.

24 मार्च 2020 ते 26 एप्रील 2020 मेरेन वेगवेगळ्या राष्ट्रीयत्वाच्या 6117 पर्यटकांक स्वदेशांत धाडल्यात अशी म्हायती विदेशी फांट्याचे पुलीस अधिक्षक श्री. बॉस्को जॉर्ज हांणी दिली. 2339 यूके नागरीक, 1173 रशियाचे नागरीक, 692 जर्मनीचे नागरीक, 240 फ्रांसाचे नागरीक आनी 156 इटलीचे नागरीक तातूंत आसपावीत आसात.

संबंदीत देशांतल्या राजदुतावासा कडेन संयोजन करून विमानाची तजवीज केल्ली आनी विमान दाबोळी विमानतळा सावन उड्डाण घे मेरेन गृह वेव्हार मंत्रालयाच्या शिश्टाचाराचें पालन सक्तीन केल्लें.

DI/NB/JA/AP/2020/1942

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA